Panaji National 17th August 2026 8.40 am

भारताक 2047 मेरेन पुराय विकसीत राष्ट्र करपाचें ध्येय साध्य करपा खातीर तरणाटे, गरीब, बायलो आनी शेतकारांक सशक्त करप गरजेचें अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां.

NTA न UGC-NET जून २०२६ च्या इंग्लीश, वाणिज्य आनी समाजशास्त्र तीन पेपरा खातीर फेर-परीक्षेची घोषणा केल्या.

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय अनुभव पुरस्कार, 2026 भेटयतले.

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज gangetic अस्तंत बंगाल आनी ओडिशात दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला.

BWF बॅडमिंटन संवसारीक चॅम्पियनशिप आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता.

Amit Shah – 120

भारताक 2047 मेरेन पुराय विकसीत राष्ट्र करपाचें ध्येय साध्य करपा खातीर तरणाटे, गरीब, बायलो आनी शेतकारांक सशक्त करप गरजेचें अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. नरेंद्र मोदी सरकार ह्या घटकांच्या कल्याणाचेर आनी उदरगतीचेर खासा लक्ष दिता अशें ताणें सांगलें. ते काल राज्यांतल्या 17 जिल्ह्यांनी स हजार चारशें कोटी रुपया परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घालून आनी उक्तावण केल्या उपरांत राजस्थानांतल्या अलवरांत एका कार्यावळींत उलयताले. शेतकारांच्या कल्याणा खातीर सरकारान जायते उपक्रम सुरू केल्यात अशें तांणी सांगलें. 2014 ते 2026 ह्या काळांत मोदी सरकारान शेतकारांखातीर महत्त्वाच्या येवजणांची सुरवात केली आनी किमान आधारभूत मोल (MSP) सातत्यान वाडयले, अशें तांणी नमूद केलें.

ह्या वेळार केंद्रीय गृहमंत्र्यान किसान सम्मान निधी येवजणे खाला निधी थेट शेतकारांच्या बँक खात्यांतय हस्तांतरीत केलो.

NTA – 120

UGC-NET परीक्षेतल्या इंग्लीश, वाणिज्य आनी समाजशास्त्र या तीन विषयांच्या प्रश्नपत्रिकांनी साबार त्रुटी आशिल्ल्याच्या कागाळी उपरांत, 'नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी'ने (NTA) या विषयांची

पुनर्परीक्षा घेवपाची घोषणा केल्या. NTA ने दिलल्या म्हायती प्रमाण, इंग्लीशीची परिक्षा 9 सप्टेंबराक पयल्या शिफ्टांत सकाळीं 9:00 ते 12:00 मेरेन जातली, जाल्यार वाणिज्य पेपर त्याच दिसा दुसरे शिफ्टांत सांजवेळा 3:00 ते 6:00 मेरेन जातलो. समाजशास्त्राची परिक्षा 10 सप्टेंबराक पयले शिफ्टांत सकाळीं 9:00 ते दनपारां 12:00 मेरेन जातली.

ज्युनियर रिसर्च फेलोशिप (JRF), सहाय्यक प्राध्यापकपदाखातीर पात्रता आणि PhD कार्यक्रमांमदि प्रवेशाखातीर, NTA न २२ ते ३० जून या कालावधीत ८७ विषयांखातीर UGC-NET जून २०२६ परीक्षा आयोजित केलली.

ह्या त्रुटींची चवकशी करपा खातीर एनटीएन एक समिती स्थापन केल्ली. निष्पक्ष आनी त्रुटीमुक्त परिक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर समितीन ह्या तिनूय विशयांची परिक्षा परतून घेवपाची शिफारस केली.

Anubhav – 70

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय अनुभव पुरस्कार, 2026 दितले. कर्मचारी, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयान सांगलें, ह्या कार्यावळींत पेन्शन मित्राचेर हॅंडबुक, आनी राष्ट्रव्यापी डिजिटल लायफ सर्टिफिकेट (DLC) कॅम्पेन-5 खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी करतले. तशेंच ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण एक बॅंनक प्रदर्शन लेगीत घडोवन हाडटले, जातूंत 17 पेन्शन वितरण करपी बॅंको निवृत्त कर्मचाऱ्या खातीर तयार केल्लीं उत्पाद आनी सेवा दाखयतले अशेंय तातूंत सांगलां.

Air India – 70

एअर इंडियान जाहीर केलां की, विशाखापट्टणमाक येवपी आनी विशाखापट्टणमातल्यान वचपी तांची सगळीं विमानां आयज सावन भोगापूरमांतल्या नव्या अल्लुरी सीताराम राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळावयल्यान सध्याचो VTZ विमानतळ कोड वापरून चलतलीं. 77 हजार 342 चौ. मीटर क्षेत्रफळात पसरिल्ल्या ह्या नव्या टर्मिनलांत प्रवाशांचो आराम आनी विमानतळाची कार्यक्षमता सुदारपाखातीर आधुनिक सुविधा उपलब्ध केल्यात. हांगा 22 चेक-इन काउंटर, 18 self-baggage drop units, आधुनिक तपासणी यंत्रणा, अद्ययावत सामान हाताळणी सुविधा आनी प्रवाशांक सुरळीत अनुभव दिवपाखातीर सात एरोब्रिज आसात.

JPSC – 30

झारखंडांतल्या JPSC-JSSCच्या भरती परिक्षांनी जावपी अनियमितताये संबंदी विद्यार्थ्यांचो निशेध 24व्या दिसा पावला. भरती परिक्षेंत जावपी अनियमितताये आड विद्यार्थ्यांनी आंदोलन चड खर केलां. सरकार आनी विद्यार्थी प्रतिनिधी हांचे मदीं आयज चर्चेची आनीक एक फेरी जावपाची आसा.

India BRICS – 80

भारत मंगळारा नवी दिल्लींत बारावी ब्रिक्स पर्यावरण मंत्र्यांची बसका घडोवन हाडटलो. ह्या बसके पयलीं आज ब्रिक्स पर्यावरण कार्यगट आनी हवामान बदल आनी शाश्वत विकास संपर्क गटाच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यांची बसका जातली. भारताच्या ब्रिक्स अध्यक्षपद 2026 अंतर्गत-लवचिकताय, नवोन्मेष, सहकार्य आनी शाश्वतता निर्माण ह्या व्यापक विशया खाला ही कार्यावळ जातली. हि बसका केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांच्या अध्यक्षतेखाला जातली. हि बसका सखोल चर्चा, सहमती आणि पर्यावरणीय सहकार्य घटमूट करपाखातीर एक व्यासपीठ उपलब्ध करून दितली अशे पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान सांगलें.

CEC – 30

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार आयज पाटणांत वेंचणूक साक्षरता क्लब (ईएलसी 2.0) सुरू करतले. वेंचणूक साक्षरता, डिजिटल सहभाग, आनी लोकशायेंत नागरिकांच्या सार्थक भागीदारीक नव्यान चालना दिवपाचे दिकेन हो उपक्रम एक म्हत्वाचें पावल.

Vaishnaw – 80

पिवपाच्या उदकाच्या दर्ज्या विशीं भारताचे नियंत्रक आनी महालेखापरीक्षक (CAG) हांच्या अहवाला उपरांत रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल पुराय रेल्वे नेटवर्कांतल्या पिवपाच्या उदकाच्या दर्ज्याचो दीसभर नियाळ घेतलो. तशेंच प्रवाशांक सुरक्षीत आनी निवळ पिवपाचें उदक सुनिश्चीत करपा खातीर बेगोबेग दुरुस्ती उपाय येवजण्यो करचे अशें तांणी अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले. सुरक्षीत पिवपाचें उदक हें मुखेल प्राधान्य आसा आनी ताचेर थेट board पांवड्यार नदर दवरतले अशें मंत्रालयान सांगलें. पारदर्शकता सुनिश्चीत करपा खातीर वेळावेळार प्रगती आनी उदकाच्या दर्ज्याचे अहवाल उजवाडायतले अशें मुखार म्हणलां.

IMD – 80

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज gangetic अस्तंत बंगाल आनी ओडिशात दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. छत्तीसगढ, उदेंत मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांत आज दाट उटनगराचो ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. तशेंच आंध्र प्रदेश, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, कोंकण, गोंय,

मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा.

हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, बिहार, झारखंड, कर्नाटक, आनी ओडिशात वादळी वारें वांगडा गडगड आनी जोगला मारपाचो अदमास उक्तायला. तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर अशीच हवामानाची स्थिती आसतली.

FIH – 20

दादल्यांच्या हॉकींत भारतीय पंगड आयज नेदर्लंड्सांत जावपी दुसरे मॅचींत इंग्लंडा आड खेळतलो. भारतान वेल्साचेर 3-1 अशे जैत मेळोवन आपली मोहीम सुरू केली, जाल्यार इंग्लंडानय पाकिस्तानाक 4-1 अशी हारोवन बरी सुरवात केली. Badminton – 60
BWF बॅडमिंटन संवसारीक चॅम्पियनशिप आयज नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमांत सुरू जावपाची आसा. भारतीय खेळगडे आयज उक्तावणाच्या दिसा आपली मोहीम सुरू करतले.

बायलांच्या एकोडे गटांत आदले संवसारीक वस्ताद आनी धावे सुवातेर आशिल्ली पी व्ही सिंधु आयर्लंडचे सोफिया नोबल आड खेळटले. जाल्यार ट्रीसा जॉली आनी गायत्री गोपीचंद हि महिला डबल्स जोडी पयल्या फेरयेंत स्पेनाच्या पॉला लोपेझ आनी लुसिया रॉड्रिगीस ह्या जोडये आड खेळतली.